Panaji regional

27 July 2026

7.25 am

Pm

विघार्थाच्या कल्याणा खातीर भारत सरकार खुपशी पावलां उबारता. फास्ट ट्रॅक कोर्ट केला. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी परीक्षा सुधारणां खातीर एक उच्च-स्तरीय कार्यगट (टास्क फोर्स) ची स्थापना करपाची घोषणा केल्या आनी गटाचे फुडारपण फामाद तंत्रज्ञान तज्ज्ञ नंदन निलेकणी करतले. एका व्हिडिओ संदेशात त्यांनी सांगले की, हो कार्यगट परीक्षांमधल्या सुधारणांचेर लक्ष केंद्रित करतलो आणि त्याच्या अहवालाच्या आधारान, आगामी परीक्षांची विश्वासार्हता सुनिश्चित करपाक बेगीनात बेगीन पावलां उबारतले . परीक्षांबाबत कठोर कायदेशीर तरतुदी आशिल्लो नवीन कायदो संसदेत मांडपाया दिशेनय सरकार पावलां उबारता आनी स्पर्धा परीक्षांची सचोटी सांबाळपाक आणि लाखांनी विद्यार्थ्यांचो फुडार सुरक्षित करपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशेय त्यांनी ठामपणान सांगले.

180 मन की बात

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी kaal आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना कारगिल विजय दिसाच्या निमतान राष्ट्राच्या धाडसी जवनाचो उगडास केलो . शहीदांक श्रद्धांजली दिवचो आनी सुरक्षीत, सक्षम, आनी आत्मनिर्भर भारत उबारपाचो संकल्प आनीक घटमूट करचो अशें मोदी हांणी सांगलें. राष्ट्रांत 7 ऑगस्टाक 'राष्ट्रीय हातमाग दीस' मनयतले. देशांत विणकारांची कुशळटाय आनी सृजनशीलताय ह्या दिसा मनयतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

हातमागाच्या कारागिरींक उर्बा दिवन विणकारांक मान दिवचो आनी ‘व्होकल फॉर लोकल’ जावपाची भावना आनीक घटमूट करची अशें तांणी सांगलें.

## नगरपालिका प्रभाग

राज्य वेंचणूक आयोगान इकरा नगरपालिकांच्या प्रभाग फेररचणुकेचो प्रस्तावित मसूदो जाहीर केला. प्रभाग फेरचणुकेविशी नागरिकांंक हरकती वा सुचोवण्यो सादर करपाक 30 दिसांची मुजत दिल्या. ह्या मुजतीत नागरिकांंक फेरचणुकेविशीच्यो हरकती लेखी स्वरूपात सादर करच्यो पडटल्यो. हरकतींचो विचार करून प्रभाग फेररचणुकेची निमणी अधिसूचोवणी राज्य वेंचणूक आयोग जारी करतलो.मुरगाव, मडगाव, काणकोण, सांगे, कुंकळ्ळी, केपे, कुडचडे - काकोडा, पेडणे, म्हापसा, दिवचल आनी वाळपय ह्या इकरा नगरपालिका मंंडळांचो कार्यकाळ सोपिल्ल्यान प्रसासकाची नेमणूक जाल्या. ह्या इकरा नगरपालिकांंच्या वेंंचणुकेची प्रक्रीया राज्य वेंंचणूक आयोगान सुरू केल्या. प्रभाग फेररचणुके उपरान आरक्षणाची अधिसूचना जारी जातली. ऑक्टोबरान इकरा नगरपालिकांची वेंचणुक जावपाची शक्यता आसा.

## सिद्धार्थ कुंकळयेकर

भाजपाचे ज्येष्ठ फुढारी आणि सरचिटणीस सिद्धार्थ कुंकळयेकर हाणी नीट पेपरफुटी प्रकरणी सुरू आशील्ल्या विद्यार्थी आंदोलनाचो वापर देशविरोधी अजेंडा chalovpaak आणि उमर खालिद सारख्या व्यक्तींच्या सुटकेची मागणी करपाच्या यत्नाचो खर उतरानी निषेध केला.पत्रकारांकडेन उलयताना कुंकळयेकर हाणी , नीट पेपरफुटी ही देशभरातल्या २२ लाखां परस अधिक विद्यार्थ्यांच्या भविष्याकडेन संबंधित एक अत्यंत गंभीर गजल आसा अश्ये म्हटला.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हॉनच्या फुडारपणा

खालच्या  केंद्र सरकारन कठोर कारवाई करत आरोपींक अटक केली, जलदगती न्यायालयाची स्थापणुक केली आणि जबाबदारी स्वीकारून केंद्रीय शिक्षणमंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाचो राजीनामो घेतला. तरीय देशविरोधी शक्तींकडल्यान विद्यार्थ्यांच्या व्यासपीठांचो वापर करून तानचे दुष्ट हेतू साध्य करपाचो यत्न जाता म्हुण कुंकळ्येकर हाणी खर हुस्को उक्तायला.

खेळ

डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोअर स्टेडियमार जाल्ल्या निमण्या खेळात 'यू मुंबा टीटी' 'डेम्पो गोवा challengersaak 8-5 अशे हारोवन बटरफ्लाय अल्टिमेट टेबल टेनिस' (UTT) सीझन ७ जैतिवंत थारले

'टेबल टेनिस फेडरेशन ऑफ इंडिया'च्या (TTFI) सहकार्यानं आणि नीरज बजाज आणि विटा दानी यांच्या फुडाकारं आयोजित 'बटरफ्लाय UTT सीझन ७' त जगभरातल्या ४२ खेळाडूंचा सहभाग आशिल्लो, आणि हातूंत १४ ऑलिम्पियन्सचो आस्पाव आशिल्लो

हवामान

गोय हवामान केंद्रान, २६ ते २९ जुलै हे सलग चार दिसांखातीर उत्तर आणि दक्षिण जिल्ह्यांक यलो अलर्ट जारी केला.हवामान विभागाच्या अंदाजाप्रमाण, २७ ते २९ जुलैदरम्यान काय वाठारानी ghogyani पावस

पद्पाचो अदमास आसून, वराक ४० ते ५० किलोमीटर वेगान वारो व्हाव्तालो अशी शिटकावणी दिल्या..